आयज संवसार 10 आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयता प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आणि मंत्रिमंडळाच्या सगळ्या वांगड्यानी वेगवेगळ्या सुवातेचेर आयोजित कार्यावळींनी योगासना केली

राष्ट्रपती द्रौपदि मुर्मू हामी भाजपाचे लोकसभा वांगडी भर्तृहरी महताब हांची प्रो टेम स्पीकर म्हण नियुक्ती केल्या

बांगलादेशाची प्रधान मंत्री शेख हसीना दोन दिसांच्या भारत दौसा आसा

सीबी आयन युजीसी नेट २०२४ परीक्षेच्या संदर्भात गु गुन्याव दाखल केला

दादल्यांच्या आय सी सी क्रिकेट टी २० खेळात काळ भारतान अफगाणिस्तानाकी हारायले

STORY 75

10वो आंतरराश्ट्रीय योग दीस आयज देशभरात आनी परदेशांत मनयतात. जम्मू-काश्मीरांतल्या श्रीनगरांतल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाबी सुवाळ्याचें फुडारपण केले आनी आयज सकाळी शेर-ए-काश्मीर आंतरराष्ट्रीय परिशद केंद्र SKICC त मुखेल कार्यावळ जाळली. राष्ट्रीय राजधानी आनी देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी आयज वेगवेगळे सामुहीक योग प्रात्यक्षिकांची प्रदर्शनं जाबली

2015 वर्सा आंतरराष्ट्रीय योग दीस सुरू जाले उपरांत प्रधानमंत्री ताच्या प्रचारांत एक मुखेल व्यक्तिमत्त्व जावन संवसारभरांतल्या वेगवेगळ्या प्रतिकात्मक सुवातींनी उत्सव घडोवन हाडटा, तातूंत दिल्ली, चंडीगढ, देहरादून, रांची, लखनौ, म्हैसूर आनी अमेरिकेच्या न्यूयॉर्कांत कार्यावळी घडोवन हाडटा

Modi 275

की प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी कालच्यान दोन दिसांच्या जम्मू- काश्मीराच्या भोवडेर आसात. जम्मू-काश्मीराक बेगीनच राज्याचा दर्जो मेळटली अशी आश्वासन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिले. श्रीनगरांतल्या शेर-ए-काश्मीर आंतरराष्ट्रीय परिशद केंद्रत एम्पॉवरिंग यूथ, ट्रान्सफॉर्मिंग जम्मू-काश्मीर ह्या कार्यावळीत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, केंद्र सरकारान हालींच्या काळांत केंद्रशासित प्रदेशांतल्या आतंकवादी हल्ल्यांक खूब गंभीरतायेन घेतलां आनी जम्मू-काश्मीराच्या दुस्मानाक योग्य रितीन जाप दितले. जम्मू-काश्मीरांत रस्ते, उदका पुरवण आनी उच्च शिक्षणाची मुळावी बांदावळ हाचो आस्पाव आशिल्ल्या 1500 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्याद घाली. तांणी 1,800 कोटी रुपयांचा शेती आनी संबंदीत क्षेत्रातला स्पर्धात्मकता सुदारणा JKCIP सुरू केलो. तशेंच सरकारी क्षेत्रांत भरती जाल्ल्या सुमार 2000 तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां वांटलीं. मोदी हांचे वांगडा आयुश मंत्री प्रताप राव जाधव, जम्मू-काश्मीर लेफ्टनंट गव्हर्नर मनोज सिन्हा आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी आशिल्ले श्रीनगरांतल्या SKICCत पावतकच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जम्मू-काश्मीरच्या यंग अचीवर्सानी स्थापन केल्ल्या वेगवेगळ्या स्टॉल प्रदर्शनांची पलेवणी करून तोकडे संवाद सादलो आनी तांची प्रेरणादायक यशोगाथा आयकली. हे निमतान उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, देशांतल्या लोकांक एनडीएचे हेत खबर आसात आनी ताका लागून तांणी तांकां तिसरे खेपे सत्तेर वेंचून काडल्यात. अटल बिहारी वाजपेयी हांणी दिल्लो इंसानीयत, जमहूरियत आनी काश्मीरीयत हो नारो आतां ह्या वाठारांत साकार जावपाक लागला अशें तांणी सांगलें. हालींच जाल्ले लोकसभा वेंचणुकेंत जम्मू-काश्मीरांतल्या लोकांनी व्हड प्रमाणांत वांटो घेतिल्ल्याची गंणी तोखणाय केली आनी ह्या वाठारांतल्या तरणाट्यांनी लोकशायेचेर खर विस्वास दाखयला. अशे म्हणून आयज काश्मीरांत आपूण ह्या वाठारांतल्या लोकांचे उपकार मानपाक आयला अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, पूण त्याच वेळार हालींच काश्मीरी लोकांनी व्हड प्रमाणांत मतदान जोल्ल्यान विरोधकांनी एकय उतरांनी प्रोत्साहन दिवंक नाशिल्ल्यान तांणी ताचेर खर टिका. जम्मू-काश्मीरांतल्या लोकांक राज्याचा दर्जो बहाल करनले आनी जम्मू-काश्मीरांत बेगीनूच विधानसभा वेचणूक

जातली अशी आश्वासन मोदी हांणी दिले. सबका साथ, सबका विकासा खाला फाटल्या धा वर्सात आपल्या सरकारान हातांत घेतिल्ल्या कांय उदरगतीच्या उपक्रमांचेरूय प्रधानमंत्र्यानी भर दिलो.

Aujrat 75

गुजरातांत बानास्कांत जिल्ह्यांतल्या भारत-पाकिस्तान शिमेलागीं आशिल्ल्या नाडा जुंव्याचेर राज्य पांवड्यावेली योग कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ह्या कार्यावळींत मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल वांटो घेतले. नाडा जुंव्यार जावपी ह्या महोत्सवाक सुमार धा हजार लोक हाजीर रावपाची शक्यताय आसा.
अहमदाबादांत जावपी योग दिसा कार्यावळींत केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आनी सूरतांत जावपी कार्यावळींत केंद्रीय उदका वीज मंत्री सी.आर. पाटील उपस्थित रावतले

मजगतीं, गुजरात टपाल मंडळांन एक आगळोच योग दीस मनयतले आनी ट्रॉपिक ऑफ कॅन्सरा लागसारच्या जिल्ह्यांनी योग. सामुहीक संत्रां घडोवन हाडटले.

Bihar 60

बिहारांत आंतरराष्ट्रीय योग दीस राज्यांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी उमेदीन मनयतात. राजधानी पाटणाच्या कंकरबाग हांगाच्या पाटलीपुत्र खेळां संकुलांत भव्य योग व्यायाम शिबिर आयोजीत केला. ह्या कार्यावळीक उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी वांगडा भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी हाजीर आसात. समस्तीपूर जिल्ह्यांतल्या सरायरंजनांत केंद्रीय गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय योग दीस मनयतात. भाजपाचे जायते वरिश्ठ फुडारी पक्षाच्या कार्यालयांनी आनी हेर सुवातेर योग महोत्सवाच्या खाशेल्या कार्यावळींनी वांटो घेतात.

Yog day 110

जम्मू-काश्मीरांतल्या आरएस पुरा सेक्टरतल्या आंतरराष्ट्रीय शिमेच्या निमाण्या चौकचेर सीमा सुरक्षा दळ BSFचे अधिकारी आनी जवानांनी योगासन केली,

जाल्यार लद्दाखांतल्या लेह हांगाच्या कर्नल सोनम वांगचुक स्टेडियमांतय भारतीय लश्करी जवानांनी योगासन केली. लद्दाखांतल्या पांगोंग त्सो तळ्यालागीं शाळेतल्या भुस्गीय योगा कैस्लीत. उत्तर शिमेचेर बर्फाळ उंचायेचेरूय भारतीय लश्कराचे जवानागयोगासनी केली. दिल्ली विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यांनी विद्यापिठाच्या उत्तर कॅम्पसांतल्या बहुउद्देशीय हॉलांतय योगासन केली. ईशान्य दिल्लीचे भाजपा खासदार मनोज तिवारीय विद्यार्थ्यां वांगडा योग दीसाचे कार्यावळीन वोटेकार जाले.

राजस्थानांत जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत मुख्यमंत्री भजनलाल शर्मा, उपमुख्यमंत्री प्रेमचंद बैरवा आनी राज्य मंत्रीमंडळाचे हेर मंत्र्यांनी योगासन केली. उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ आनी राज्यपाल आनंदी बेन पटेल हांणी लखनौ हांगा योग कैली. उत्तराखंडांत योगगुरू बाबा रामदेव हाणी हरिद्वारांत आचार्य बालकृष्णा वांगडा योगासन केली.

Delhi 100

आयज संवसार आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयत ना दिल्लीतल्या मंत्री आनी अधिकाऱ्यांनी निरोगीपण आनी मनाची जतनाय घेवपाचें म्हत्व सांगपा खातीर योगासनैा केली. भलायकी मंत्री जे.पी. नड्डा हांणी यमुना खेळां संकुलांत सामुहीक योग प्रदर्शनांत वांटो घेतलो. म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव औय अँड बी सचीव संजय जाजू हांणी लोधी गार्डनांत योगासना केली

केंद्रीय संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणीय नवी दिल्लीच्या मिलेनियम पार्कात आंतरराश्ट्रीय योग दीस मनलाचें फुडारपण केलें. केंद्रीय मंत्री प्रहलाद जोशी, एचडी कुमारस्वामी आनी बी.एल. वर्मा राश्ट्रीय राजधानींत वेगवेगळ्या सुवातींनी योगासनैा केली. तशेंच आयज सकाळीं लश्करी मुखेल लेफ्टनंट जनरल उपेंद्र द्विवेदी आनी भारतीय नौदल मुखेली एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हांणीय योगासनै केली.

Murmu 85

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भाजपचे लोकसभा वांगडी भर्तृहारी महताब हाँथी प्रो-टेम स्पीकर म्हणून नेमणूक केल्या आनी ह्या पदाची वैचणूक जाय मेरेन ते सभापती पदाचेर आसतले. संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू सोशल मिडिया पोस्टांत म्हणलां की, प्रो-टेम सभापतीचो आनी नवनिर्वाचितांक सोपूत घेवपाक मदत करपा खातीर राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सभापतीची वैंचणूक जाय मेरेन 18 वे लोकसभेचे वांगडीण सुरेश कोडीकुन्नील, थलिकोट्टई राजुथेवर बालू, राधा मोहन सिंग, फग्गन सिंग कुलस्ते आणि सुदीप बंदोपाध्याय हांची नियुक्ती केल्या. सोमारा सावन अठराव्या लोकसभेचें पयलें अधिवेशन सुरू जातलें आनी ह्या म्हयन्याच्या 26 तारखेक लोकसभेच्या अध्यक्षाची वैंचणूक जातली.

Hasina 50

बांगलादेशाची प्रधानमंत्री शेख हसीना आयच्यान दोन दिसांच्या भारताल दौऱ्यार आसात. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन द्विपक्षीय सल्लामसलत करपा वांगडाच राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हांची भेट घेतली. बांगलादेशाची प्रधानमंत्री परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर रॉचीय भेट घेतली. भारतांत नवे सरकार स्थापन जाले उपरांत ही पयली दद्विपक्षीय भेट आसतली.

सीबीआय-यूजीसी ५०

सीबीआयन यूजीसी नेट जून 2024 परीक्षेच्या संदर्भात गुन्यांव दाखल केला. युजीसी नेट परिक्षेच्या प्रामाणीकपणाकडेन तडजोड केल्ल्यान शिक्षण खात्याच्या सचीवान केल्ले कागाळीच्या आदाराचेर अज्ञात व्यक्तीं आड हो गुन्यांव नोंद केला. गुन्हेगारी कट आनी फटवणूक ह्या कलमांखाला गुन्यांव दाखल केला. ह्या महिन्याच्या १८ तारखेक देशातल्या वेगवेगळ्या शारांनी नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन ही परीक्षा आयोजित केल्ली.

क्रिकेट - ९०

दादल्यांच्या आयसीसी संवसारीक कप टी-20 क्रिकेट सर्तीत सुपर 8 च्या फेरीयेत काल राती जाल्ल्या खेळात भारतान अफगाणिस्तान पंगडाचेर ४७ धावंड्यानी जैत जोडले. भारतान अफगाणिस्तान पंगडामुखार 182 धावंड्यांचे मोख दवरील्ली. भारताच्या सुर्यकुमार यादव हांणे सगळ्यात चद 53 धावंड्यो केल्यो. अफगाणिस्तानच्या राशिद खान हांणे तीन गडे बाद केले. उपरांत अफगाणिस्तानचो पंगड 20 षटकात 134 धावंड्यांचेर सोपलो. भारताचो गोलंदाज जसप्रीत बुमरान बेसबरी गोलंदाजी करताना तीन गडे बाद केले. सूर्य कुमार यादवाक सामनावीर म्हूण घोषित केले. आयज सुपर-8 फेरीयेत ऑस्ट्रेलिया आनी बांगलादेश पंगडामदी खेळ सुरु आसा. तशेच इंग्लंड आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी दुसरो खेळ जातलो. भारतीय वेळेप्रमाण राती 8 क हो खेळ जातलो.

NIA 65

प्रतिबंधित आतंकवादी संघटना बब्बर खालसा इंटरनॅशनल (बीकेआय)चेर केल्ल्या कारवायेंत राष्ट्रीय तपास एजन्सी (एन आय ए) न काल आतंकवादी लखबीर सिंग संधू कडेन संबंदीत आशिल्ल्या एका मुखेल कार्यकर्त्याक अटक केल्या. 10 दुबावितां कडेन संबंदीत वाठारांत बहुराज्य सोद घेवन पंजाबांतल्या फिरोजपूर जिल्हयांतल्यान जसप्रीत सिंगाक अटक केल्याचें एन आय एन सांगलें. तशेंच विदेशी आतंकवादी लखबीर सिंग संधू कडेन संबंदीत आशिल्ल्या जसप्रीत हाचे कडल्यान वेगवेगळीं डिजिटल उपकरण्मां आनी कांय गुन्यांवकारी साहित्य जप्त केलां.

Coal 60

सरकार आयज व्यावसायिक कोळशाच्या खणींच्या लिलावाची 10वी फेरी सुरू करतलें. ह्या फेरयेंत 60 ब्लॉक दितले. केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी हैदराबादांत हो लिलाव सुरू करतले.

MIFF

अठरावो मुंबय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव (MIFF) आयज सांजवेळा मुंबयंत संपन्न जाता. ७ दिसांच्या ह्या कार्यक्रमाची सुरवात ह्या म्हयन्याच्या १५ तारखेक चार्ली हॅमिल्टन जेम्स दिग्दर्शीत 'बिली अँड मॉलीः ॲन ऑटर लव्ह स्टोरी'च्या भारत प्रीमियरान जाल्ली

STORY

आठराव्या मुंबय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत 61 भाशांतले 59 देशांतले 314 चित्रपट, 8 संवसारीक प्रीमियर, 5 आंतरराष्ट्रीय प्रीमियर, 18 आशिया प्रीमियर आनी 21 भारतीय प्रीमियर आशिल्ले.MIFFन आकर्शक मास्टर क्लास आनी वेगवेगळ्या उद्देगीक दिग्गजां कडेन पॅनल चर्चा घडोवन हाडल्यो. फिल्म निर्मात्यांक तांच्या प्रकल्पां खातीर खरेदीदार, प्रायोजक आनी सहयोगी सोदपा खातीर एक मंच दिवन फिल्म निर्मितीचो प्रसार करपा खातीर पयलेच खेपे डीओसी फिल्म बाजार आयोजीत केल्लो. वेगवेगळ्या विशेष दिव्यांगांखातीर खाशेले चित्रपट दाखोवपा वांगडाच NFDC न स्वयंसेवी संस्थे कडेन भागीदारी केली